७.2.२०२६ @ ७.20 pm

आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या प्रादेशिक खबरा

मुखेल खबरो

मनाशांचे शिक्षण केन्नाच सोपना , पुस्तकी शिक्षणापरस काळाप्रमाण नव-नवे शिक्षण आत्मसात करप महत्वाचे आसा ,ताका लागुन तरणाट्यांनी सेगीत शिकत रावचे अशे आवाहन राज्यपाल पुसापती अशोक गजपती राजु हांणी केला

2026-2047 ह्या काळात भारताच्या उदरगतीचो विचार करून केंद्रीय अर्थमंत्री निर्मला सितारामण हाणी सादर केल्लो अर्थसंकल्प विकसित भारताची घटमुट बुनयाद रोवपी आसा अशे मत केंद्रीय बायलां आनी भुरगी खात्याची मंत्री अन्नपुर्णा देवी यादव हीणे व्यक्त केला

उदरगतीचे बाबतीत दिवचल नगरपालिकेक गोय राज्यातली एक आदर्श नगरपालिका करपाखातीर आपुण सदाच कटीबद्ध आसा अशें मत खासदार श्रीपाद नाईक हाणीं उक्तायले

भारत आनी श्रीलंका संयुक्तपणान आयोजीत करपी आयसीसी दादल्यांच्या टी-20 विश्वचषक 2026 आयज सुरू जाली

रश्मी 150

मनाशांचे शिक्षण केन्नाच सोपना , पुस्तकी शिक्षणापरस काळाप्रमाण नव-नवे शिक्षण आत्मसात करप महत्वाचे आसा ,ताका लागुन तरणाट्यांनी सेगीत शिकत रावचे अशे आवाहन राज्यपाल तशेचं गोंय विद्यापिठाचे कुलगुरु पुसापती अशोक गजपती राजु हांणी केला. तुमची मायभास, संस्कृती, कामिली, पंरपरा, प्रादेशिक वोळख विसरु नाकात अशे राज्यपालान म्हणला. गोय विद्यापिठाच्या 36 व्या दिक्षांत सुवाळयावेळार ते उलयताले. ह्यावेळार उप- कुलगुरु हरीलाल बी मेनन, सुवाळ्याचे मुखेल सोयरे म्हण केंद्रिय विज्ञान

आनी तंत्रगिन्यान संचालनालायचे सचिव प्राचार्य अभय करंदीकार तशेंच गोंय विद्यापिटाचे हेर मानेस्त हाजीर आशिल्ले. ही कार्यावळ बांबोळे श्यामा प्रसाद मुखर्जी स्टेडीयमाचेंर जाली.

ह्या दिक्षांत सुवाळ्यात 15036 विद्यार्थ्यांक पदवी ,2176 पदव्युत्तर डीग्री, 138 विद्यार्थ्यांक भांगरा पदक, जाल्यार 129 जणांक डॉक्टरेट पदवी फावो जाला अशी म्हायती प्रा. हरीलाल मेनन हांणी दिल्या. तुमच्या गिन्यानाचो शिक्षणाचो उपेग विकसित भारत करपाखातीर करात , भारतात अपेक्षित सकारात्मक बदल घडोवन हाडप तरणाट्यांच्य हातात आसा अशे मत ह्यावेळार प्रा. अभय कंरदीकार हांणी व्यक्त केला. नवे- नवे शिकुन घेवपाची इच्छाशक्ती सदाच मतीत दवरात अशे तांणी म्हणला.

राजेश 40

साखळी नगरपालिका वाठारातल्या सगळ्या आपवावुरपी संस्थांची एक खास कार्यावळ सांखळी रवींद्र भवनात घडोवन हाडल्या. या सुवाळ्याक साखळीचे आमदार मुख्यमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत ,सांखळीची नगराध्यक्ष सिद्धी पोरोब ,उपनगराध्यक्ष दयानंद बोर्येकर हजर आसतली.हे कार्यवळीक आपवावुरपी संस्थानी हजर रावचें अशें आवाहन आयोजकानी केला.

राजेश 70

दिवचल सर्वणच्या फ्रेंड सर्कल स्पोर्ट्स आणि कल्चरल क्लबान आयोजित केल्या अखिल गोय व्हॉलीबॉल लीग 2026 सर्तीचे उक्तावण मये मतदारसंघाचे आमदार प्रेमेंद्र शेट हांचे हस्तुकी जाले .या सुवाळ्याक तांचे वांगडा कारापूर सर्वण जिल्हा पंचायत वांगडी महेश सावंत, थळावे सरपंच ,उपसरपंच ,पंच हजर आसले.या सुवाळ्यात उलयताना आमदार शेट हाणीं सांगले की खेळ भावनेतल्यान खेळगड्यानी सर्तींत वाटेकर जावपाक जाय.फाटली कितलीशीच वर्सा सर्वणची ही व्हॉलीबॉल संस्था सर्त आयोजीत करता हाकालागून ताणीं सर्वण फ्रेंड्स क्लबाक परबी भेटयली.

रश्मी 210

2026-2047 ह्या काळात भारताच्या उदरगतीचो विचार करून केंद्रीय अर्थमंत्री निर्मला सितारामण हाणी सादर केल्लो अर्थसंकल्प विकसित भारताची घटमुट बुनयाद रोवपी आसा अशे मत केंद्रीय बायलां आनी भुरगी खात्याची मंत्री अन्नपुर्णा देवी यादव हीणे व्यक्त केला.पणजे भाजप मुख्यालयात घेतील्ल्या पत्रकार परीशदेवेळार ती उलयताली. गोंयाक पर्यटन,sea food export तशेंच शेतकी मळार केंद्रीय अर्थसंकल्पात केल्ल्या तरतुदीचो फायदो जातलो असो विस्वास मंत्री अन्नपुर्णा देवी यादव हीणे व्यक्त केला.

make in india,तशेंच आत्मनिर्भर भारत करपाच्या नदरेतल्यान हो अर्थसंकल्प महत्वाचो आसा अशेय ताणी म्हणले.ह्या अर्थसंकल्पात bio pharma,semi conductor mission 2.0,कापड निर्मिती, AI, elctronic component manufacturing ,लघु आनी सुक्ष्म उद्देग,भौशिक उपेगाची साधन सुविधाचीं उदरगत,local for global, शेतकी,गांवगीऱ्या वाठाराची उदरगत,Dairy, fishing, तशेंच हेर विशयांचो बारकायेन अभ्यास करून अर्थिक तरतुदी केल्यात.ताका लागुन हो अर्थसंकल्प दुरदृश्टीन तशेंच विकासाक गती दीवपी,तशेंच युवाशक्ती सशक्त करपी ,human centric आनी सर्वसामान्याच्या विस्वासाक पात्र थारील्लो अर्थसंकल्प आसा अशे मंत्री अन्नपुर्णा देवी यादव हाणी म्हणले .

गोंयचे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांचेकडेन आपले ह्या भेटीदरम्यान उलवप जाला.ह्यावेळार गोंयच्या बायल आनी भुरगी खात्याच्या कामाचो नियाळ आपणे घेतला.तांतुन अंगणवाडी केंद्र,भुरग्यांक सरकाराकडल्यान दीतात तो पुश्टीक आहार,बिगर गोयकारांक अंगणवाडी वरवी केंद्र सरकाराकडल्यान दीवपी येवजण्यांच्या लावांवीशी चर्चा जाली अशी म्हायती ताणी दील्या.
पणजी भाजपा मुख्यालयात जाल्ल्या ह्या पत्रकार परीशदेवेळार गोंय भाजप प्रदेशाध्यक्ष दामोदर नायक,केंद्रीय अक्षय उर्जा राज्य मंत्री श्रीपाद नायक,राज्यसभेचे खासदार सदानंद शेट तानावडे,तशेंत भाजपाचे फुडारी ॲड नरेंद्र सावयकार हाजीर आशील्ले.

ह्यो खबरो तुमी आकाशवाणीच्या पणजी केंद्र वेल्यान आयकतात
ब्रेक

आकाशवाणी पणजी आता मुखावेल्यो खबरो

राजेश 70

उदरगतीचे बाबतीत दिवचल नगरपालिकेक गोय राज्यातली एक आदर्श नगरपालिका करपाखातीर आपुण सदाच कटीबद्ध आसा अशें मत खासदार श्रीपाद नाईक हाणीं उक्तायले .दिवचल नगरपालिकेक भेटयल्या नव्या कोयरवाहू गाडयेंच्या उक्तावण सुवाळ्यात ते उलयताले. हेवेळार दिवचलचे आमदार डॉक्टर चंद्रकांत शेटये, दिवचल नगरपालिकेचे नगराध्यक्ष विजयकुमार नाटेकर, उपनगराध्यक्ष दीपा पळ ,नगरसेवक आनिकेत चणेकर आनी हेर मानेस्त हजर आसले.ह्या शिल्लक या गाडीचो उपयोग दिवचल पालिकेक वाठार स्वच्छ दवरपाखातीर जातलो अशें मत आमदार डॉक्टर चंद्रकांत शेटये हाणीं उक्तायलें.

सुशांत 150

साकवाळ हांगाच्या बिट्स पिलांनी शिक्षण संकुलात बिट्स व्यवस्थापनान आत्महत्या प्रतिबंध धोरण तयार करचे अशी सुचोवणी दक्षिण गोंय जिल्हो देखरेख समितीच्या तिसऱ्या बसकेत केली. ही बसका दक्षिण गोंयच्यो जिल्होधिकारी ॲग्ना क्लिटस हांच्या यजमानकेखाला जाली. फाटल्या आयतारा बिट्स पिलानीच्या सांकवाळ हांगाच्या संकुलात एके २० वर्सांचे विद्यार्थिनीन आत्महत्या केल्ली. ह्या फाटभूयेचेर ही बसका आपयल्ली. ह्या बसकेत दक्षिण गोयचे पुलीस अधीक्षक टिकम सिंग वर्मा, गोय सरकारचे उच्च शिक्षण संचालक भूषण सावयकार, बिट्स पिलानीचे डीन सुमन कुंडू तसेच तांत्रिक शिक्षण, समाज कल्याण, भलायकी खाते, आदिवासी कल्याण खात्याचे अधिकारी आनी मुरगावचे पुलीस उपअधीक्षक अशिले. ह्यावेळार बिट्स पिलानीचे डीन सुमन कुंडू हांणी विद्यार्थ्याची

मानसिक भलायकी बरी उरची हे खातीर बिट्स पिलानी शिक्षण संस्थेन फावो ते उपाय घेतल्यात. ह्या शिक्षण केंद्रात विद्यार्थ्यांचे समुपदेशन करपाखातीर तज्ञांचो आस्पाव आशिल्लें केंद्र सुरु केल्ले आसा. त्याशिवाय विद्यार्थ्याचेर ताण येवचो न्हय हेखातीर ताकां फावो त्या खेळां सुविधा दिल्यात आनी वाचप घरय सुरु केला अशे सांगलें. विद्यार्थ्यांच्या सुरक्षेखातीर पुराय कॅम्पसात सीसीटीव्ही कॅमेरे बसयल्यात आनी हेर उपाय घेतल्यात अशें तांणी सांगलें.

सुभाष 40

गोवा पुस्तक महोत्सव एक बऱ्यातलो बरो महोत्सव आसा आनी ताका सगळ्यांनी भेट दिवंची असो उलो नामनेची लेखिका प्रा. माधुरी शानभाग हांणी मारला. महिलांनी तर व्हडा संख्येन येवन हो पुस्तक महोत्सव पळोवंचो , आपल्या आवडीची पुस्तकां विकत घेवंची अशें तांणी मागला

DIP 160

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकीं आनी कामगार, महसूल आनी को□र वेवस्थापन मंत्री आतानासिओ मोन्सेरात हांच्या उपस्थितीत 'विज्ञान मंथन' ह्या अभिनव शिक्षणीक उपक्रमाच्या लोगोचें अनावरण जालें. ह्या वेळार मुख्याध्यापक. विशाल गजानन सिन्नापूरकर आनी तांच्या वांगड□ाची उपस्थिती आशिल्ली. शाळा, कुटुंब आनी समाज हांकां एकठा□ जोडून वैज्ञानिक दृश्टीकोन आनी कुतूहल वाडोवप हें 'विज्ञान मंथन' ह्या नव्या शिक्षण मॉडेलाचें मुखेल उद्दिश्ट आसा.

'विज्ञान मंथन' हो भारती□ ज्ञानपरंपरेकडेन जोडिल्लो, प्रत्यक्ष अणवाचेर आदारित विज्ञान शिक्षणाचो सर्वसमावेशक जनजागृती उपक्रम आसा. शाळा, कुटुंब आनी समाज ह्या तीन पावंड्यार उपक्रम राबोवपाक, तो विज्ञान सेतू, विज्ञान खिडकी आनी विज्ञान महोत्सव ह्या तीन स्तंभांनी उभारिल्लो आसा.

संशोधन, प्र□ोगशीलता आनी भारती□ ज्ञानपरंपरेचो आदार घेत, हो उपक्रम विज्ञान शिक्षणाक वर्गाच्या भा□र घेवन वता. 'विज्ञान सेतू – बालमनांक जोडपी पुल' हो प□लो स्तंभ आसा आनी तो तिसवाडी तालुक्यातल्या सगळ्या सरकारी प्राथमिक शाळा आनी 'अपना घर' संस्थांनी राब□तात. ह्या उपक्रमान तिसवाडीन विज्ञान केंद्र स्थापनेची संकल्पना बळकट जाल्या. समर्पित सरकारी माध्यमिक शिक्षकांच्या फुडारपणा खाला हो उपक्रम हजारांनी

विद्यार्थी आनी शिक्षकांची वैज्ञानिक जिज्ञासा, चिकित्सक विचार आनी सांस्कृतिक अभिमान वाड□ता.

स्पोर्ट्स 40

भारत आनी श्रीलंका संयुक्तपणान आयोजीत करपी आयसीसी दादल्यांच्या टी-20 विश्वचषक 2026 आयज सुरू जाली . पाकिस्तान आनी नेदर्लंड्स हांचे मदली सुरवातीची मॅच कोलंबोच्या सिंहली स्पोर्ट्स क्लबांत जाली . दुसरी मॅच दनपारां 3 वरांचेर कोलकाता हांगाच्या ईडन गार्डन्सांत वेस्ट इंडीज आनी स्कॉटलंड हांचे मदीं चलता.

वेदर 30

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान 34.5 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान २१.५ डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला. राज्यात वातावरण सुके आणि वताळ आसतले

आणि आता परतून एक फावट काय मुखेळ खबरो

आणि इत्ल्यान ह्यो प्रदिशिक खबरो सोप्ल्यो आमच्यो मुख वेल्यो प्रादेशिक खबरो फाल्या आयकात ७.२५ मिनटाचेर नमस्कार